**<u>जिल्हा आनी राज्य पांवड्यावयल्या युवा महोत्सवा खातीर प्रवेशीका मागयल्यात</u>**

ता. 5 सप्टेंबर 2023

खेळा आनी युवा वेव्हार खात्यावतीन ता. 26 आनी 27 सप्टेंबर 2023 रविंद्र भवन, मडगांव हांगा दक्षीण गोंय जिल्हा पांवड्याचेर आनी ता. 29 आनी 30 सप्टेंबर 2023 दिसा रविंद्र भवन, साखळी हांगा उत्तर गोंय जिल्हा पांवड्याचेर युवा महोत्सवाचे आयोजन करपात येतले. तशेंच ता. 5 आनी 6 ऑक्टोबर 2023 दिसा रविंद्र भवन, मडगांव हांगा राज्य पांवड्यावयल्या युवा महोत्सवाचे आयोजन करपात येतले.

जिल्हा पांवड्यावयल्या युवा महोत्सवात तरेकवार सर्तींचे आयोजन करपात येतले. राज्य युवा महोत्सवाखातीर दोनीय जिल्ह्यातल्यान पयले तीन जैतवंत पात्र आसतले आनी राज्य युवा महोत्सवातल्या जैतवंतांची निवड राष्ट्रीय युवा महोत्सवा खातीर जातली.

महोत्सवात सहभागी जावपाखातीर शिक्षणीक संस्था, युथ क्लब, संगीत संस्था, नोंदणी केल्ले युवा पंगड आनी राज्य खात्यामार्फत विहित नमुन्यातल्यान अर्ज मागयल्यात. 15 ते 29 वर्सा पिराय गटातले युवक महोत्सवात वाटो घेवपाक पात्र आसात.

महोत्सवात वाटो घेवपी युवकांचो जल्म दाखलो, आधार कार्ड, बँक पासबुक कॉपी अर्जा वांगडा जोडपाक जाय. पुराय भरिल्ले अर्ज 18 सप्टेंबर 2023 मेरेन खेळा आनी युवा वेव्हार संचालनालय, कांपाल पणजी हांगा स्वता सुपूर्द करपाक जाय.

चड म्हायती खातीर एपीईओ श्रीमती सिंथीया सिक्वेरा हांचेकडेन 9823393657 ह्या नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/697

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.